
# सासाय

खंड : 03, अंक : 04, जून – डिसेंबर 2025
(Volume: 03, Issue: 04, June-December 2025)

सहकर्मी-समिक्षाकृत आंतरराष्ट्रीय कोंकणी संशोधन पत्रिका
(Peer Reviewed International Konkani Research Journal)

## कोंकणी संशोधन पत्रिका


कोंकणी अध्ययनशाखा,
शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला,
गोंय विद्यापीठ
ताळगांव – पठार, गोंय

# सासाय

(गोंय विद्यापिठाची सहकर्मी-समिक्षाकृत आंतरराष्ट्रीय कोंकणी संशोधन पत्रिका)

**जून – डिसेंबर 2025 । खंड : 03 । अंक : 04**

मुखेल संपादक

**डॉ. हनुमंत चोपडेकार**

संपादक

**नरेश चंद्रकांत नायक**

**कोंकणी संशोधन पत्रिका**

कोंकणी अध्ययनशाखा,

शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला,

गोंय विद्यापीठ

(गोंय विद्यापिठाची सहकर्मी – समिक्षीत आंतरराष्ट्रीय कोंकणी संशोधन पत्रिका)
SAASAAY | VOLUME: 3 | ISSUE: 4 | JUNE- DECEMBER 2025
(Goa University's Peer-Reviewed International Konkani Research Journal)

प्रकाशक :
**कोंकणी अध्ययनशाखा, शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला,**
गोंय विद्यापीठ, ताळगांव-गोंय, 403206.

**© गोंय विद्यापीठ**

संपादक मंडळ
**डॉ. हनुमंत चोपडेकार (मुखेल संपादक)**
**प्रा. नरेश चंद्रकांत नायक (संपादक)**
**प्रा. कृपाली नायक (वांगडी)**
**प्रा. सोनिया गडकार (वांगडी)**
**डॉ. डॅनीस वाझ (वांगडी)**
**डॉ. फा. लुईश गोमिश (वांगडी)**

मुखपृश्ट : **श्री. कलानंद उर्फ अनंत कामत बांबोळकार**

मांडावळ आनी छापणावळ : **शरद एन्टरप्रायजेस,** ओल्ड गोवा

**कळोवणी:** ह्या अंकांत प्रकाशीत बरपावळ वा तिचो खंयचोय वांटो वापरचे पयलीं 'सासाय' अंकाच्या प्रकाशकाची परवानगी घेवप गरजेचें आसा. ह्या अंकांतले बरपावळींत उक्तायल्ले विचार-मतां-निती-रितीं कडेन संपादक मंडळ वा प्रकाशक सहमत आसतलेच अशें ना. बरपावळींतलें संभाव्य आशय-साम्य वा वाङमय चौर्य आदींची जापसालदारकी फकत संबंदीत बरोवप्यांचीच आसतली. ताका 'सासाय' चे जाळवणदार जापसालदार आसचे नात.

**मोल रू.250/-**

# मांडावळ

07 उणीं डिजिटल संसाधनां आशिल्ल्या भाशां खातीर तंत्रीक आदाराची गरज: प्रगती आनी भाशीक तांक वाडोवपा खातीर आराखडो
- प्रो. (डॉ.) भूषण भावे

18 कोंकणी कादंबरी : वाचक मनाचेर पडिल्लो प्रभाव आनी परिणाम
- डॉ. प्रकाश पर्येंकार

29 देवनागरी लिपयेचो कोंकणी आनी मराठी भासांनी जावपी उपेग: एक तुलनात्मक अभ्यास
- डॉ. रमा मुरकुंडे

35 'व्हडलें घर': क्रूरतायेची शीम हुपपी धगधगतें वास्तव
- डॉ. रेश्मा खोलकार

44 गोंयच्या साश्टी-कुडतरी गांवांतल्या पर्यावरणीय उतरावळीचें पर्यावर्णीय-भाशेचें विश्लेशण
- डॉ. डॅनीस वाझ

63 वेंचीक कोंकणी नाटकांत आयिल्लो संस्कृती आनी आधुनीकताये मदलो संघर्श
- कृपाली नायक

71 मीना काकोडकाराचे कथेंतलें बालविश्व : बाल मानसिकतेच्या दृश्टीकोनांतल्यान अभ्यास
- जोफा गोन्साल्वीस

79 चतुरंगा आनी काळमाया ह्या नाटकांतल्या मिथकांचें स्वरूप आनी तांची आदिबंधात्मक समिक्षा
- गोरक शिरसाट

| | |
|---|---|
| 91 | **वर्सल कथा संग्रहः मानवीय मुल्ल्यां, समाजीक आनी सैमीक तत्वांचो विचार**<br>- नरेश चं नायक |
| 101 | **'वनवाशी पूत' हे रेजीनाल्द फेर्नांडीसाचे रॉमांसींत गोंय आनी गोंयकारपणा बाबतींत विकसीत जाल्ले विशय आनी रॉमांसीची विस्कटावणी**<br>- फादर जुजे सिल्वेरा एस. जे |
| 108 | **जयंती नायक हांच्या 'गर्जन' आनी 'तिची कथा' ह्या कथा संग्रहांतल्या कथांतली मिथकसृश्टी**<br>- सानिका अ. गांवकार |
| 116 | **प्रकाश पर्येंकाराच्या कथांनी बायलांचें जिवीत आनी संघर्श**<br>- दिपा आर. रायकर |
| 123 | **देंवचारः क्रिस्तांव धर्मांत देंवचार संकल्पनेचें रुपांतर**<br>- सॅन्सिको डायस |
| 135 | **डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांच्या 'पिसोळीं' कवितासंग्रहांत दिसून येवपी जिविताचें तत्वगिन्यान**<br>- प्रा. रजत अ. हेगडे |
| 145 | **कोंकणी कवितेंतलो विद्रोही स्वर**<br>- आकाश गांवकार |

# देवनागरी लिपयेचो कोंकणी आनी मराठी भासांनी जावपी उपेग: एक तुलनात्मक अभ्यास

**डॉ.रमा मुरकुंडे**
सहाय्यक प्राध्यापक, कोंकणी अध्ययन शाखा, गोंय विद्यापीठ, गोंय.
rama.murkunde@unigoa.ac.in
9850468278

***सारांश-***

*मनीस समुहांत रावपाक लागलो, एकामेकां कडेन संपर्क करपाक लागलो तेन्ना भाशेचो उपेग सुरू केलो तो पयलीं मौखीक स्वरूपान. हजारांनी वर्सांम उलगल्या उपरांतूच उलयता तें कुरू रूपान मांडपाचो विचार आयला आसुंये आनी लिपयेचो जल्म जाला आसुंये. बरोवपाची सुत्रबद्ध पद्धत म्हळ्यार लिपी. चित्र लिपी, कूट लिपी, वर्णीक लिपी, अक्षरीक लिपी अशें लिपयांचें वर्गीकरण आसा. देवनागरी लिपी ही अशीच एक अक्षरात्मक लिपी. ही ब्राम्ही लिपयेच्या फांट्यांतल्यान उदेवाक आयिल्ली लिपी. कांय भासांची आपली एक स्वभावीक लिपी आसता जाल्यार कांय भासो भास म्हूण आपलें अस्तित्व स्थापीत करपा खातीर आदींच घोळिल्ली, प्रस्थापीत लिपी आपणायता. केन्नाय परिस्थितीक लागून एकादे भाशेक आपली निजाची लिपी आसूनय दुसरी लिपी आपणावची पडटा. एकादी भास एका परस चड लिपयो वापरून बरोवंक येता. जाल्यार एकेच लिपयेंत अनेक भासोय बरोवंक येतात*

*कोंकणी आनी मराठी ह्यो भारतीय आर्य कुळांतल्या पश्चीम फांट्यांतल्यो भयण भासो. दोनूय भासो देवनागरी लिपी वापरतात. पूण दोनूय भासो एकेच लिपयेचो उपेग एक सारको करता काय, उपेगांत वेगळेपणां आसात काय, हो सोदपाचो वावर ह्या प्रपत्रांत केला.*

***विशय केंद्रीत उतरां-***

*लिपी, देवनागरी, कोंकणी, मराठी, लिपयेचो उपेग.*

## सुरवात

### लिपयेची व्याख्या-

मनशान विचारांची देवाण-घेवाण करपाक नांदाचो उपेग केलो आनी भाशेची रचना केली. मौखीक साहित्याचीय रचना केली. पूण काळांतरान ताका आपूण उलयता तें मूर्त रूपान सांबाळून उरचें अशें दिसलें आनी लिपयेचे निर्मणेक चालना मेळ्ळी.

लिपी म्हळ्यार कितें असो प्रस्न मुखार येता तेन्ना ताची व्याख्या विद्वानांनी कशी केल्या ते पळोवप गरजेचें थारता. 'देवनागरी लिपि स्वरूप, विकास और समस्याएँ' ह्या पुस्तकांतल्या 'नागरी सर्व गुण आगरी' ह्या लेखांत श. दा. चितले लिपयेची व्याख्या अशी दितात- "अक्षरों को लिखने की पद्दती या ध्वनियों को लिखकर बताने के चिन्ह का नाम ही लिपी है|" (पान क्र. 42) म्हणजेच ध्वनीक बरोवपाच्या कुरवांक लिपी म्हणटात.

जाल्यार कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यास कोश लिपी ह्या उतराचो अर्थ असो दिता-

'लिपीः स्त्री [सारू लिपये-] उलयिल्लें लिखीत रुपांत सांगपा खातीर उपकारायिल्ल्या कुरवांची माळ, अक्षरमाळ' (पान क्र. 1614)

ह्यो दोनूय साद्यो सोप्यो व्याख्या लिपी ही संकल्पना स्पश्ट करतात.

### लिपयेचे प्रकार

संवसारांत वेगवेगळ्या भागांनी विवीध काळांत वेगवेगळ्या गरजांक लागून लिपयेचो जल्म जालो खरो पूण मनशान सुरवेकच आयज आमी उपकारायतात ती ध्वन्यात्मक लिपयेची निर्मणी केली ना. ती बऱ्याच उपरान्त जल्माक आयिली. सुरवेक मनशान समोर आसा त्या वस्तूंचो आकार ताका जसो दिसलो तशें ताणें चित्र पितारलें. हातूंतल्यान जल्माक आयली ती चित्र लिपी.

### 1.चित्र लिपी

मनशान तयार केल्ली ही सगळ्यांत पयली लिपी. हांतूत चित्रांचोच उपेग जातालो. नादाक म्हत्व नाशिल्लें. पूण अर्थ म्हत्वाचो आशिल्लो. माधवी सरदेसाय 'भासाभास' ह्या पुस्तकांच्या लिपी आनी बरोवप ह्या प्रकरणांत म्हणटात, "लिपयेच्या इतिहासाच्या सुरवेच्या काळांत मनशान उतराच्या अर्थाक कुरू दिल्ली, नादाक न्हय." (पान क्र. 111) कारण एकाच वस्तीक चार वेगवेगळे नादां पुंजुले वापरूंक शकतात पूण ताचो अर्थ एकूच आसता. अशा चित्र लिपयेचे अवशेश फ्रांस, स्पेन, इटली आनी हेर देशांनी मातयेच्या आयदनांचेर, हतयांच्या दांतांचेर, हाडांचेर, शिंगाचेर कोंतरायल्लें मेळटात. इजिप्शियन, सुमेरियन आनी चिनी ह्यो चित्र लिपयेच्यो कांय देखी.

### 2.सूत्रलिपीः

पुर्विल्ल्या काळार लोकांनी आपल्याक याद उरपाक जाय हो हेतू दवरून सुताक गांठी मारपाक सुरवात केली. गांठ कशे तरेची मारल्या, कितल्यो

मारल्या, कसलो रंग ताका लायला ते प्रमाणें ताचो अर्थ समजतालो.

### 3.ध्वनीलिपीः

अर्था कडल्यान पयस वचून नादाक जेन्ना लिपी म्हत्व दिवपाक लागली तेन्ना ध्वनीलिपी अस्तित्वांत आयली. हें भाशेचें प्रतिरूप. भाशेंतल्या अक्षरांक आनी नादांक दर्शवपी. हिच्यो दोन तरा आसात-

### अ) अक्षरीक लिपी-

हे लिपयेंत एका अक्षराक एक कुरू आसता. एका अक्षरांत एका परस चड नाद आसूं येतात हें मतींत दवरपाची गरज आसा. देखः देवनागरी लिपी. हे लिपयेंत 'ख' सारखें अक्षर वयलेचाराक पळोवपाक एक नाद दिसूं येता पूण बारीकसाणेन पळयल्यार तातूंत 'क्', 'ह्' आनी 'अ' अशा नादांचो आसपाव आसा हें समजता.

ब) वर्णीक लिपी-

हे लिपयेंत एका वर्णाक म्हळ्यार एका नादाक एक कुरू दिल्ली आसता. देखः रोमी लिपी

कोंकणी आनी मराठी- देवनागरी लिपयेचो उपेग

अक्षरीक लिपी भारतांत कांय भासांची स्वभावीक लिपी आसा. हाची देख म्हणल्यार कोंकणी आनी मराठी ह्यो दोनीय भयण भासो. डॉ. सु.म कत्रे हांणी 'द फॉर्मेशन ऑफ कोंकणी' ह्या पुस्तकांत कोंकणीच्या स बोलयांचो अभ्यास मांडलो आनी कोंकणीचें भारतीय आर्य कुळांतलें स्थान निश्चीत केलें. तांणी कोंकणीक भारतीय आर्य कुळांच्या दक्षिण-पश्चिम फांट्यांत बसयली. कोंकणी बरोबर मराठी ह्या फाट्यांत आसली. एक वेळ गुजराती लेगीत ह्याच फांट्याचो एक भाग आसुंये. पूण गुजराती वेगळे लिपयेचो उपेग करता. कोंकणी आनी मराठी मात दोनूय देवनागरी लिपयेचो भाशेची स्वभावीक लिपी म्हूण उपेग करतात. कोंकणी भास देवनागरी बरोबर रोमी, कानडी लिपयांनी अजूनय बरयतात. जाल्यार मलयाळी आनी अरबी-फारशी लिपयेंत आदीं बरोवप आसलें हें हांगा मुजरत नमूद करता.

### कोंकणी आनी मराठी भासांत देवनागरी वापराची पद्धत

सगळ्यांत सुरवेक स्वरा खातीर आशिल्ल्या कुरवांचो उपेग कसो जाता ते पळोवया. कोंकणींत आनी मराठींत जे स्वर समान आसात ते अशेः अ, आ, इ, ई, उ, ऊ, ए, ऐ, ओ, औ.

कोंकणी भाशेंत 'अं' आनी 'अः' हांचो उपेग उच्चारांत उणोच जाता वा जायना म्हळ्यारूय जाता.' ॠ' आनी 'ॠ' हे स्वर कोंकणींत उपेगांत नात.'ॠ' चो उपेग संस्कृतोद्भव उतरां बरयतना जाता. देखीकः 'ॠचा', 'ॠशी'. पूण हांचो उच्चार 'रूचा', 'रूशी' असो जाता.

### ॲ आनी ऑ

कोंकणी भाशेच्या नीज उतरावळींत /ɛ/ आनी /ɔ/ हे स्वर आसात. कोंकणी भाशेच्या

आर्विल्ल्या साहित्याचें जनक म्हूण जांकां लेखतात ते शणै गोंयबाब ह्या दोनूय स्वरांक कोंकणीक भास म्हूण मराठी कडल्यान वेगळावपी सह्याद्रीची उपमा दितात. पूण ह्या दोनूय नादां खातीर, /ɛ/ नादा खातीर 'अॅ' ही कुरू आनी /ɔ/ नादा खातीर 'ऑ' ही कुरू सद्या कोंकणी बरपांत मेळटा. ह्यो कुरवो भाशेंत बरोवपाक टंक लेखन आयिल्ल्याक तयार जाल्यात आसुंये. आदींच्या बरपांनी ह्यो कुरवो बरोवपाक नाशिल्ल्यो पूण हांचो उच्चार कोंकणी नीज उतरांनी घोळटा.

देखीक-

| 1 | 2 | 3 |
|---|---|---|
| कोंकणी बरप | कोंकणी उच्चार | IPA |
| हो नवो काळो घोडो. | हॉ नवॉ काळॉ घोडॉ. | /hɔ nɔʋɔ kaɭɔ gʰɔdɔ/ |

**तकटो. 1. कोंकणीचो ऑ उच्चार**

कोंकणींत बरयतना नीज उतरांनी जर 'अॅ' आनी 'ऑ' स्वर आसत जाल्यार ह्या नादां खातीर 'अॅ' आनी 'ऑ' ह्यो कुरवो वापरी नासतना 'ए' आनी 'ओ' ह्या नादां खातीर आशिल्ल्यो कुरवो वापरतात. 'अॅ' आनी 'ऑ' ह्यो कुरवो फकत विदेशी आनी चडश्यो इंग्लीश भाशेंतल्यान घेतिल्ल्या उश्ण्यां उतरां खातीर उपेगांत हाडटात.

देखीक- बॅट, बॉल, स्पॅन,आदी.

मराठी भाशेंत मात 'अॅ' आनी 'ऑ' स्वर नीज मराठी उतरांनी नात. हे स्वर फकत उश्ण्या उतरां खातीर आतां उपेगांत हाडटात. आदी उश्ण्या उतरांचोय उच्चार ए आनी ओ हे स्वर वापरून जातालो.

कोंकणी आनी मराठी नीज उतरांनी आशिल्ल्या ए, अॅ, ओ आनी ऑ स्वरांच्या उतरांच्यो देखी अश्यो आसातः

| कोंकणी बरप | कोंकणी उच्चार | IPA | मराठी बरप | मराठी उच्चार | IPA |
|---|---|---|---|---|---|
| तो (दादलो) | तॉ (दादलो) | /tɔ/ | तो (मुलगा) | तो (मुलगा) | /to/ |
| हो (कावळो) | हॉ (कावळो) | /hɔ/ | हो (आलोच) | हो (आलोच) | /ho/ |
| हे (वर्ग) | हॅ (वर्ग) | /hɛ/ | हे (वर्ग) | हे (वर्ग) | /he/ |
| ते (बगले) | तॅ (बगले) | /tɛ/ | ते (बगले) | ते (बगले) | /te/ |

**तकटो. 2. कोंकणींतलो ऍ आनी ऑ उच्चार**

दोन वेगळ्या स्वनीमां खातीर कोंकणी भाशेंत बरपात एकूच कुरू वापरिल्ल्या कारणान नव्यान कोंकणी शिकपी विद्यार्थ्याक सवकळ नाशिल्ल्यान तो कुरू आसा तशी उच्चार करता. पूण संदर्भा प्रमाण उच्चार बदलपाक जाय हें अशो चुकी जाल्या उपरान्त समजता.

## कोंकणी –मराठीः देवनागरी बरपांतलीं व्यंजनां आनी तांचो उच्चार

कोंकणी भाशेंत 'ष' हें व्यंजन बरोवपांत चडशे संस्कृतांतल्यान घेतिल्ल्या तत्सम उतरांनी आसता. पूण ताचो उच्चार 'श' असो जाता. मराठींत मात 'ष' आनी 'श' हांचो ज्या नादा खातीर कुरू आसा तसोच उच्चार जाता. देखीक-

| कोंकणी बरप | कोंकणी उच्चार | IPA | मराठी बरप | मराठी उच्चार | IPA |
|---|---|---|---|---|---|
| उषा | उशा | /uʃa/ | उषा | उषा | /uʂa/ |
| राष्ट्र | राश्ट्र | /raʃʈr/ | राष्ट्र | राष्ट्र | /raʂʈrə/ |
| कृष्ण | कृश्ण | /kruʃɳ/ | कृष्ण | कृष्ण | /kruʂɳə/ |

**तकटो. 3. कोंकणी आनी मराठींतलो 'ष' चो उच्चार**

## कोंकणी फ आनी मराठी फ

तशेच कोंकणी ओठयीं व्यंजनां आसात तीं अशीं- प, फ, ब, भ. मराठी भाशेंतूय ओठयां व्यंजनां खातीर ह्योच कुरवो मेळटात पूण दोनूय भासो 'फ' ह्या कुरवेचो उच्चार वेगळे भशेन करतात.

कोंकणींत 'फ' ह्या कुरवे खातीर जो नाद संयोजीत केला तो दांत-ओठयो आसा. जाल्यार मराठींत हो नाद पुराय ओठयो आसा. IPA तकत्याचेर दोनूय वेगळे नाद म्हण नोंद आसात आनी दोगांकूय वेगळ्यो कुरवो आसात

देख-

| कोंकणी बरप | IPA | मराठी बरप | IPA |
|---|---|---|---|
| फळ | /fɔɭ/ | फळ | /$p^h$ɔɭ/ |
| फूल | /ful/ | फुल | /$p^h$ul/ |
| फोड | /foɖ/ | फोड | /$p^h$oɖ/ |
| फिरप | /firəp/ | फिरणे | /$p^h$irɳe/ |

**तकटो. 4. कोंकणी आनी मराठींतलो वेगळो 'फ' चो उच्चार**

## कोंकणींतलो फ चो दांत-ओठयो उच्चार

'च' – कोंकणी आनी मराठींत वापराचें साम्य

कोंकणींत एके कुरवेक दोन नाद दिल्यात हाची देख म्हळ्यार च. हें मोव-ताळवें व्यंजन. पूण हाचे दोन नाद आसात. एक मोव-ताळवो नाद आनी दुसरो ताळवो नाद. मराठी आनी कोंकणींत ह्या दोन वेगळ्या नादां खातीर एकूच कुरू वापरपाची चाल दोनूय भासांनी दिश्टी पडटा.

| कोंकणी बरप | IPA | मराठी बरप | IPA |
|---|---|---|---|
| चार(पणसाची) | /ʦaɾ/ | चोर | /ʦaɾ/ |
| चामड | /ʦamɖɛ/ | चमचा | /ʦəmʦa/ |
| चार( वरां) | /ʧaɾ/ | चहा | /ʧəha/ |

**तकटो. 5. 'च' चो उच्चार- एक कुरू, दोन नाद**

## निश्कर्शः

दर भाशेक आपली एक वेगळी लिपी आसतली अशें नासता. केन्ना कांय भासांक तांची स्वताची स्वभावीक लिपी आसता जाल्यार कांय भासो, भास म्हूण बरपाच्या मळार पावल दवरता तेन्ना दुसरे खंयचेय भाशेची लिपी आपणायता. एके लिपयेचो वापर अनेक भासो करपाक शकतात. हाची देख आमकां कोंकणी आनी मराठी ह्यो भयण भासो दितात.

लिपी जरी एक आसली तरी दर भाशेंत तिचो उपेग दुसरे भाशेंत जाता तसोच जातलो हाची खात्री नासता. देखून एकादी लिपी येता म्हणजे ते लिपयेंत बरयता ते भाशेंच्यो उच्चारणाच्यो सगळ्यो बारीकसाणी कळटल्योच ही खात्री घेवूं नज.

कोंकणी आनी मराठी देवनागरी लिपयेचो उपेग करतात पूण कांय कडेन एकूच कुरू वापरून लेगीत दोनूय भासो भिन्न उच्चार करतात हें स्पश्ट जाता.

फुडाराच्या अभ्यासा खातीर कोंकणींतल्या स्वर आनी व्यंजनांच्या उच्चारांतल्यो आनीक बारीकसाणो सोदपाची गरज आसा.

## संदर्भ:


1. गांवकार, भालचंद्र. 'लिपी',कोंकणी भाशाविज्ञान, मित्र प्रकाशन, फोंडें- गोंय, 15 जून, 1993
2. सरदेसाय, माधवी. भासाभास, जाग प्रकाशन, प्रियोळ, गोंय, 1993
3. घाणेकार, दामोदर केशव. कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश,
4. चितले, श.दा. 'नागरी सर्व गुण आगरी' देवनागरी लिपि स्वरूप, विकास और समस्याएँ, संपादक न.चि.जोगलेकर और भगवानदास तिवारी, हिंदी साहित्य भंडार, लखनऊ-3, व्दितीय संस्करण, जनवरी, 1974
5. दास, श्यामसुंदर, 'भारतीय लिपियों का विकास', भाषाविज्ञान, विश्वभारती प्रकाशन, नागपूर-12, 2012.
6. Dwivedi, D.S. 'Devnagri Writing', Bulletin of the Deccan College Post- Graduate and Research institute, Vol.51/52, Professor S.M. Katre Felicitation Volume, 1991-1992, pp 271-287
7. Katre, Sumita Mangesh, The Formation of Konkani, Deccan College Post Graduate and research Institute, Yeravada, Poona-6, 1966.
8. https://ncert.nic.in/textbook/pdf/khgd106.pdf
9. https://en.m.wikipedia.org/wiki/Bhil_language
10. https://mr.m.wikipedia.org.wiki/लिपी
11. www.ancient.eu/script/
12. https://en.m.wikipedia.org/wiki/History_of_Writing


■■■